# सिगारेट आनी तंबाकू उत्पादन कायद्यात दुरूस्ती

ता. 2 मे 2025

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान 'सिगारेट आनी हेर तंबाकू उत्पादनां (पॅकेजिंग आनी लेबलिंग) कायदो 2008' त दुरूस्ती केल्या आनी आता हो कायदो 'सिगारेट आनी हेर तंबाकू उत्पादनां (पॅकेजिंग आनी लेबलिंग) दुरूस्ती कायदो 2024' असो आसतलो.

तशेंच नवीन कायद्यात भलायकी शिटकावणेत्या संहितेत बदल केला. पॅकिंगाच्या तांबड्या पृश्ठभागाचेर 'TOBACCO CAUSES PAINFUL DEATH' ही उतरां धव्या फॉण्ट रंगात आसपाक जाय. जाल्यार 'QUIT TODAY CALL 1800-11-2356' ही उतरां आनी फिगर काळ्या पृश्ठभागाचेर धव्या फॉण्ट रंगात आसपाक जाय.

भलायकी शिटकावणीचो फॉण्ट आनी रंग www.mohfw.gov.in or https://ntcp.mohfw.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर अपलोड केल्ले प्रमाण आसपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/427

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.